# प्रादेशिक खबरो

२३१०२०२५ ७.२० pm

- केंद्रीय वजन आनी माप मंत्रालयाची देशातली पयली नियंत्रकाची राश्टीय परीशद 25 ओक्टोबराक गोंयात जाता.
- आयज भावू बीजीचो उत्सव मनयतात दिवाळे उपरांतच्या ह्या परबेन पांच दिसांच्या उत्सवाचो शेवट जाता.
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी या महिन्याच्या २६ तारखेक आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यक्रमात देश आणि परदेशातल्या लोकांवांगडा आपले विचार मांडतले
- कला आनी संस्कृती संचालनालयान केंद्र सरकारच्या 'ज्येश्ठ कलाकारांक आर्थिक मदत' ह्या येवजणेचो लाव घेवपा खातीर अर्ज मागयल्यात.

RASHMI 150

केंद्रीय वजन आनी माप मंत्रालयाची देशातली पयली नियंत्रकाची राश्टीय परीशद गोंयात जाता.25 ओक्टोबराक जावपी ह्या एका दीसाच्या परीशदेत वेगवेगळ्या राज्यातले आनी केंद्र शासीत प्रदेशाचे सुमार 50 नियंत्रक वाटो घेतले.परीशदेचे उक्तावण 25 octoberक सकाळी 10 वराचेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी पणजे मेरीयट होटेलात जातले.ह्यावेळार केंद्रीय वजन माप खाते आनी गिऱ्हायक वेव्हराचे मंत्री प्रल्हाद जोशी मानाचे सोयरे म्हण हाजीर रावतले. हे शिवाय संबंधित मंत्रालयाची सचीव निधी खरे,संचालक आशीतोश अगरवाल,गोय वजन माप खात्याचे मंत्री दीगंबर कामत तशेंच हेर मानेस्त हाजीर रावतले अशी म्हायती मंत्री दीगंबर कामत हांणी दील्या. वजन आनी माप खात्याच्या कामात पारदर्शकता,डीजीटलायजेशन तशेंच गिऱ्हायकाक विस्वासाक पात्र थारपाच्या दीकेन ह्या परीशदेत चर्चा जातली अशी म्हायती गोंय वजन आनी माप खात्याचे मंत्री दीगंबर कामत हांणी दील्या. गोयांत वजन आनी माप खात्यावतीन दर म्हयन्यात सुमार 60 जणाचेर कारवाय जाता. जाल्यार वर्सुकी सुमार 750 जणाचेर अदमाशी कारवाय जाता अशी म्हायती ह्यावेळार गोंय वजन आनी माप खात्याचे नियंत्रक अरूण पंचवाडकार हांणी दील्या. ह्यावेळार गोय वजन आनी माप खात्याचे सचीव व संजीव गडकार हाजीर आशील्ले.

रश्मी 45

उत्तर अमेरिकेंतल्या टोरोंटो शारांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 14व्या आवृत्तींत गोंयच्या प्रशांती तळपणकार हांका आंतरराष्ट्रीय विभागांतलो प्रतिश्ठीत उत्कृश्ट अभिनेत्री पुरस्कार फावो जाला; मांगीरीश बांदोडकारान दिग्दर्शीत केल्ल्या 30 मिनटांच्या कोंकणी लघुपट 'अन्सेसाव' ह्या सिनेमांत प्रशांती तळपंणकार हांका अभिनया खातीर हो पुरस्कार मेळ्ळा. हे विशी आमच्या प्रतिनिधीन तांची प्रतिक्रिया विचारली

सुभाष 100

भारत सरकाराचें समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण खातें देशांतल्या उत्कृश्ट खाजगी निवासी शाळांनी शिकपा खातीर राष्ट्रव्यापी राष्ट्रीय प्रवेश परिक्षे वरवीं वेंचून काडिल्ल्या योग्य अनुसूचित जाती चले आनी चलयांक दर्जेदार शिक्षण दिवपा खातीर शिक्षणीक वर्सा 2022-23 सावन "लक्ष्य क्षेत्रांतल्या हायस्कुलांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर निवासी शिक्षण येवजण 'श्रेश्ठा'येवजण चलयता. 2025-2026 शिक्षणीक वर्सा खातीर श्रेश्ठा खातीर राष्ट्रीय प्रवेश चांचणी आता रोकडीच जातली आनी ताचे तयारेविशी अडचणी आसत जाल्यार उमेदवारांनी खंयच्याय प्रस्ना खातीर वा स्पश्टीकरणा खातीर एनटीए हेल्प डेस्काक 011-40759000 ह्या नंबराचेरफोनकरूं येता वा एनटीए कडेन shreshta@nta.ac.in ह्या ईमेलाचेर बरोवंक येता अशे शिक्षण संचालनालयान कळीत केलां.

PM BHAI DOOJ 11 0

आयज भावू बीजीचो उत्सव मनयतात. दिवाळे उपरांतच्या ह्या परबेन पांच दिसांच्या उत्सवाचो शेवट जाता. भाऊफोटा, भाऊबीज, भाऊ टीका किंवा यम द्वितीय. अशा वेगवेगळ्या नांवांनी वळखतात भाव-भयणीं मदलो सासणाचो मोग, राखण आनी आशीर्वाद हांचें प्रतीक. ह्या शुभ दिसा भयणी आपल्या भावांच्या कपलाचेर तिळक लावून तांची सुरक्षीतताय आनी दीर्घायुष्याची प्रार्थना करतात. ताचे बदला भाव आपल्या भयणींची राखण आनी जतनाय घेवपाचें उतर दितात.

मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी भाईदूज म्हळ्यार भावबीजे निमित्त नागरिकांक शुभेच्छा दिल्यात. सोशल मीडिया पोस्टत प्रधान मंत्रयान म्हणला की, भाईदूजचो सण भाव आणि भयणी मदले परस्पर प्रेम आणि विश्वासाचे प्रतीक आसा आणि प्रत्येकाच्या जीवनात आनंद, समृद्धी आणि सौभाग् हाडटा. मोदींनी भाव आणि भयणी मदल्या नात्याक बळकटी मेळु अशो शुभेच्छाय दिल्यत.

MKB 65

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी या महिन्याच्या २६ तारखेक आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यक्रमात देश आणि परदेशातल्या लोकांवांगडा आपले विचार मांडतले मासिक रेडिओ कार्यक्रमाचो हो १२७ वो भाग . लोक या कार्यक्रमा खातीर त्यांचे विचार आणि सूचना १८००-११-७८०० या टोल-फ्री क्रमांका वरवी सादर करू शकतात. ते नरेंद्र मोदी एप वा MyGov ओपन फोरमा वरवीय ऑनलाइन त्यांचे मत शेअर करू शकतात. आगामी भागाखातीर सूचना या महिन्याच्या २४ तारखे मेरेन स्वीकारतले.

सुभाष 140

कोंकणी भाशेंत खाजगी अनुवादकांचें एक पॅनल तयार करपाच्या हेतान खांडोळा सरकारी महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान राजभास संचालनालयाच्या जोडपालवान अल्प काळा खातीरचो तांत्रिकी अणकाराचो प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम आयोजीत केला. हो अभ्यासक्रम ६ दिसाचे काळा खातीर आसतलो. प्रशासकीय, कायदेशीर आनी शिक्षणीक अणकाराचो आस्पाव आशिल्ल्या तांत्रिकी अणकाराच्या प्रमाणपत्र अभ्यासक्रमा खातीर खांडोळा सरकारी महाविद्यालयान इत्सूक उमेदवार तशेंच खाजगी अनुवादकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवारां भितर तांत्रिकी अणकारांची तंत्रां आनी कुशळाटयेची उदरगत करपा खातीर तशेंच कोंकणी भाशेंत खाजगी अनुवादकांचें पॅनल तयार करपा खातीर ह्या अभ्यासक्रमाचो हेत आसा. ह्या अभ्यासक्रमा खातीर चडांत चड ५० सिटां आसात. हांगां नोव्हेंबर ३ ते नोव्हेंबर ८ मजगतीं सकाळीं ९.३० ते ४.३० वरां मेरेन आसतलो. ह्या अभ्यासक्रमांत वाटेकार जावपा खातीर इत्सुकांकडे खयच्या फाट्यांत उच्च महाविद्यालाचें प्रमाणपत्र आनी १५ वर्सांचो राबितो दाखलो गरजेचो आसा. २९ ओक्टोबर मेरेन अर्ज ऑनलायान वा ऑफलायन धाड्चो

DIP 140

कला आनी संस्कृती संचालनालयान केंद्र सरकारच्या 'ज्येश्ठ कलाकारांक आर्थिक मदत' ह्या येवजणेचो लाव घेवपा खातीर अर्ज मागयल्यात. राज्य सरकाराच्या कला सम्मान येवजणे सारखी ही येवजण आसा. ह्या येवजणे खातीर पात्र जावपाक अर्जदाराची पिराय साठ वर्सां परस कमी आसपाक जायना. तशेंच अर्जदाराची वर्सुकीं येणावळ ताच्या जोडीदाराच्या येणावळी सयत 72,000/- रूपया (वर्साक) परस चड आसपाक

जायना. हातूंत लावधारकांक राज्य सरकाराकडल्यान आदीच मेळपी पेन्शन मदत रक्कमेचो आस्पाव ना. पात्र कलाकाराक म्हयन्याक चडात चड 6,000/- रूपया आर्थिक मदत दितले. ज्या कलाकारांक ह्या पयलीच 'कला सन्मान येवजणेचो लाव मेळटा ते कला आनी संस्कृती संचालनालया कडल्यान शिफारस पत्र घेवन वयल्या केंद्रीय येवजणेचो लाव घेवपाक शकतात. जे कलाकार कला सन्मान येवजणेचो लाव घेनात ते विभागीय सांस्कृतिक केंद्र, संस्कृती मंत्रालय (पश्चिम विभाग सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर) हांगा थेट अर्ज करून ह्या केंद्रीय येवजणेचो लाव घेवपाक शकतात. इत्सुकांनी चड म्हायती खातीर सोमार ते शुक्रार ह्या कामाच्या दिसांनी कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा संपर्क करचो

<u>सुशांत 65</u>

दवर्ली-दिकरपाल पंचायतीचे सरपंच म्हूण आयज मिनीन कुलासो हे वेंचून आयले. मात फकत चार वरांभितर तांच्याआड ६ पंच वांगड्यांनी अविश्वास थाराव दाखल केल्ल्यान ही वेंचणूक लक्षवेधी थारल्या.आदले सरपंच आणि उपसरपंच या दोगांयनीय आपल्या पदाचो राजीनामो दिल्ल्यान नवो सरपंच आनी उपसरपंच वेंचून काडपाखातीर ही वेंचणूक जाली. सरपंचपदाचे वेंचणुकेत मिनीन कुलासो हांणी विद्याधर आर्लेकार हांचेर ७ आड ४ मतांनी जैत जोडले. जाल्यार उपसरपंच म्हूण संपदा नायक बिनविरोध वेंचून आयली.

<u>BANK NOMINEE 50</u>

बँकिंग कायदे सुधारणा कायद्यांतर्गत नामांकना कडे संबंधित प्रमुख तरतुदी फुडल्या महिन्याच्या १ तारखेपासून लागू जातले. अर्थ मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, या तरतुदी ठेवीदारांक त्यांच्या पसंती प्रमाण नामांकन करपाची लवचिकता दितले जाका लागुन गिरायकांक चडान चड चार व्यक्तींक नामांकन करपाक मेळटले जाकालागुन ठेवीदार आणि त्यांच्या नामांकित व्यक्तीं खातीर दाव्याची पूर्तता सुलभ जातली

<u>DIP 80</u>

डॉ. पांडुरंग फळदेसाय हांच्या 'पेरणी जागोर' पुस्तकाचें प्रकाशन 27 ऑक्टोबर क सांजेच्या 4.30 वराचेर संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा जातले. कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. डॉ. संगीता गुंडेचा, वांगडी प्राध्यापक आनी समन्वयक, रंगमंडळ, नाट्यशास्त्र संशोधन केंद्र, केंद्रीय संस्कृती विद्यापीठ, भोपाळ ह्यो पुस्तकाचेर उलयल्यो. गोंयांतल्या देवदेवतांच्या मुर्तींची पुजा, इतिहास आनी सैमाचेर बरयिल्ले हे पुस्तक विद्यार्थ्यांक आनी भक्तांक म्हत्वाचे आसा. डॉ.

पांडुरंग फळदेसाय हांणी पुस्तकात 'पेरणी जागोर' ह्या नृत्य आनी नाट्य पंरपरेचेर अभ्यासपूर्ण लिखाण केला.

स्पोर्ट्स 110

16 वर्सां पिराये सकयले वेदांत यूथ करंड सर्तीच्या चवथ्या हंगामाक सुरवात जाली. सर्तीत वांटेकार जावपाक राज्यांतले आनी देशांतले युवा फुटबॉल खेळगडे एकठांय आसात. ऑल इंडिया फुटबॉल फॅडरेशन टॅलेंट अकादमी, कुठ्ठाळी व्हिलेजर्स, बंगळुरू एफसी, धेंपो एससी, मुथूट एफए, सेझा फुटबॉल अकादमी, एफसी गोवा आनी बेळगांव युनायटेड फुटबॉल अकादमी ह्या आठ पंगडांनी सर्तीत वांटो घेतला. SFA शिरसय कॅम्पस, वागातोर मैदान आनी एफसी गोवा गिरी मैदान हांगा पूल पद्दतीन सर्त जातली. 8 पंगडांनी दरेकी 4 पंगडांच्या दोन गटांनी विभागल्यात. देरेका गटांतले पयले दोन पंगड सेमी फायनलींत खेळटले. सेमी फायनली 27 ऑक्टोबराक जाल्यार फायनल 29 ऑक्टोबराक शिरसय आनी धुळेर मैदानाचेर जातल्यो. सध्याचो वस्ताद मुथूट फुटबॉल अकादमी आपलें वस्तादपण राखपाक इत्सूक आसा. पूण, ताका आव्हान दिवपाक हेर पंगड सज्ज आसात.

Imd 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .